# ॥ अथ श्रीसाईसच्चरीत ॥ अध्याय २६ ॥



॥ श्रीगणेशाय नमः ॥ श्रीसरस्वत्यै नमः ॥ श्रीगुरूभ्यो नमः ॥ श्रीकुलदेवतायै नमः ॥ श्रीसीतारामचंद्राभ्यो नमः ॥ श्रीसद्गुरूसाईनाथाय नमः ॥ भूतभौतीक विशयजात । हें पुराय विश्व आपले अंतर्गत । हारशांत शारा सारकें पडबिंबीत । देखाव सगलो मायेचो ॥१॥ खरेपणीं पळयल्यार [1]अनुद्भूत । आत्मस्वरुपांत [2]अनुस्यूत । तें हें विश्व स्वरुपांत स्थीत । दिसता अद्भूत चराचर ॥२॥ जें जें कितें हारशांत दिसता । तें प्रत्यक्षांत थंय नासता । जशें वासनामय न्हिदेंत भासता । पूण तें नासता जाग येतकूच ॥३॥ जागृतावस्था जेन्ना येता । सपनांत पळयिल्लो प्रपंच विरगळटा । अद्वय आनंद प्रकाश प्रगट्टा । महावाक्याक लागून सद्गुरूच्या ॥४॥ विश्वाचें जें सत्ता स्फुरण । ताचें अन्यनिरपेक्ष अधिशठान । तो गुरूआत्मो ईश्वर जेन्ना प्रसन्न । हें साक्षात्कारण तेन्नाच ॥५॥ स्वप्रकाश सदात्मक । तें हें आत्मस्वरूप देख । थंय हें विश्व भूतभौतीक । मायेचो खेळ सगलो हो ॥६॥ आब्रह्मस्तंबा मेरेन । भूतभौतीक हें सगलें कल्पनेंतल्यान । असो विस्तारला हो संवसार एकूण । देखाव फकत मायेचो ॥७॥ सोरोप माळ दांडो [3]धारो । स्वस्वरुपाच्या अज्ञानांतल्यान मानतात दोरो । तसोच हो सगलो जगाचो पसारो । थारो ना ताका स्वरुपांत ॥८॥ हें दृश्यजात मायामय । तत्वज्ञानान हाका लय । गुरूवाक्य जागृती समय । प्राप्त जाता त्या काळीं ॥९॥ तृतीय पुरूश एकवचनांत । 'गृणाती' रुपार्थ धरतकूच मनांत । शिश्याक तत्व उपदेश दिवपांत । गुरूच एक समर्थ लोकां मदीं ॥१०॥ म्हणुनूच प्रार्थुया साईंप्रत ।

---

१. प्रगट जावंक ना. २. गुंथिल्लें. ३. पांवळ्यो.

करची बुद्दी अंतरासक्त । नित्य अनित्य विवेकयुक्त । वैराग्यरत करात म्हाका ॥११॥ हांव तर सदांच विचारशुन्य मूढ । आसां अशिक्षीत व्हड [१]निगूढ । बुद्दी सदांच दुबावांचेर आरूढ । तातूंतल्यानूच गूढ हें पडलां म्हाका ॥१२॥ गुरूवेदान्त वचनांत भरवसो । दवरतलों हांव अढळ असो । करून मन जसो हारसो । निजबोध ठसो प्रगट्टलो ॥१३॥ आशिर्वाद दियात साईसमर्था । करात ह्या ज्ञानाची सार्थकता । अणभवा विणें बेठोच बडबडटां । परमार्थ कितें सादतलो ॥१४॥ म्हणुनूच बाबा तुमच्या प्रभावान । आंगांत अणभवचें हें ज्ञान । सहज [२]सायुज्य पदार पावोवन । दान हें दिवचें कृपेचें ॥१५॥ देवा सद्‌गुरूसाई तेच खातीर । देहाहंता ओंपतां पांयांचेर । हांवपण नाच म्हजे भितर । पळय आतां हांगाच्यान तुजें तूंच ॥१६॥ आपणाय म्हजो देहाभिमान । नाका सूखदुख्खाची जाण । इत्शे प्रमाण निजसुत्रा चालन । दिवन आवर मन म्हजें ॥१७॥ नाजाल्यार म्हजें जें हांवपण । तेंच स्वता तूंच जावन । आपणाय सूखदुख्खाचें भोक्तेपण । नाका हुसको म्हाका ताचो ॥१८॥ जयजयाजी पूर्णकामा । जडचें प्रेम तुज्या चरणां । मन हें चंचल मंगलधामा । मेळचो सुसेग तुज्या चरणांचेर ॥१९॥ तुजे बगर दुसरो कोण । सांगतलो आमकां हितवचन । करतलो आमचें दुख्ख निरसन । समाधान मनाचें ॥२०॥ भाग्य शिरडीचें म्हणुनूच जालें । बाबा थंय आगमन तुमचें । थंयच मुखार वास्तव्य केलें । स्थानाक त्या केलें तीर्थक्षेत्र ॥२१॥ धन्य शिरडी भाग्यवंत । जिका हो साई कृपावंत । करता तीर्थ पुण्यवंत । अलंकृत आपल्या राबित्यान ॥२२॥ तूंच म्हजी प्राणशक्त । तूंच म्हजे जिबेचो चालक । थंय हांव कोण तुजे गूण गायक । करपी करून घेवपी तूं स्वताच ॥२३॥ तुजो नित्य सांगात । हीच आमकां अखेर-सुरवात । तुजें नित्य आयकुवप चरीत । हेंच पारायण आमचें ॥२४॥ अखंड तुजें नामस्मरण । हेंच आमकां

---

१. गहन. २. चतुर्विध मुक्तींतली एक.

कथाकिर्तन । हेंच आमचें नित्य आख्यान । समाधान हेंच आमकां ॥२५॥ नाका आमकां अशें सूख । जातूंतल्यान मुकतले आमी भजनाक । हाचे परस अधःपतन तें अदीक । परमार्थ बाधक आसतलें कितें ॥२६॥ खोसयेच्या दुकांच्या उदकान । धुवया बाबांचे चरण । लावया शुद्धप्रेम चंदन । शुद्ध श्रद्धा न्हेसोवया ॥२७॥ हें अंतरंग पुजा आचरण । बाह्योपचार [१]पुजेहून । अशे तरेन तुका सुप्रसन्न । सूखसंपन्न करुया ॥२८॥ सात्त्वीक अश्टभाव-कमळ । अश्टदळ भोव निर्मळ । मन करून एकाग्र [२]अविकल । ओंपुया, निजफळ संपादुया ॥२९॥ लावया भावार्थाचो बुको । बांदुया दृढभक्तीचो कमरपटो । ओंपुया पादांगुश्ठीं गळो । भोगुया सुवाळो अपूर्व ॥३०॥ प्रितीरत्न अलंकार भुशण । उडोवया सर्वस्व उंवाळून । करुया पंचप्राण चंवरी [३]आंदोलन । कश्ट निवारण तन्मय [४]तरंगान ॥३१॥ ओंपुया अशे तरेन स्वानंदपुजा । अश्टांग गंध-[५]अरगजा । अशे आमी आमच्या [६]काजा । साईराजा पुजतां तुमकां ॥३२॥ पूर्ण जावंक मनांतल्यो इत्सा । 'साईसमर्थ' नित्य स्मरुया । ह्याच मंत्रान परमार्थ सादुया । जावया कृतार्थ निजनिश्टा ॥३३॥ फाटल्या अध्यायांत जालें कथन । साईसमर्थ दयाघन । करपाक निजभक्तांचें कल्याण । कशी शिकवण दिताले ताचें ॥३४॥ आतां ह्या अध्यायांत निरुपण । भक्तांक स्वगुरूपदीं स्थापन । करताले कशे तरेन । कथा आख्यान तें आयकात ॥३५॥ फाटल्या अध्यायांत निदर्शीत । भक्तपंत कथामृत । श्रोत्यांनो आयकात दिवन चित्त । तत्व निश्चीत जावपाक ॥३६॥ कसले कसले अणभव दाखयले । कशें निश्ठेचें काजळ घालें । कशें स्वगुरूपदाचेर अढळ केलें । शांत केलें मन कशे तरेन ॥३७॥ एकदां भोव कश्टांनी एक । पंत नांवाचे भक्त एक । गेले इश्टा वांगडा शिरडीक । दर्शन घेवंक श्रीसाईंचें ॥३८॥ ते आदले अनुगृहीत । आसले आपल्या गुरूपदीं स्थीत ।

१. परस. २. समर्थ. ३. वारो घालप. ४. सत्री. ५. शेंदूर. ६. कार्य.

कित्याक वच्चें शिरडीक । आयलो दुबाव मनांत ॥३९॥ तरीय जाचो जसो योग । तसो अकल्पीत घडटा भोग । आयलो साईदर्शनाचो ओग । जालो अचूक सूखदायी ॥४०॥ आमी आंखची येवजण एक । ईश्वराच्या मनांत भलतेंच आनीक । कोणाक जमत आडावंक दैवाक । शांत चित्तान हें आयकात ॥४१॥ वचपाचें थारावन शिरडीक । सरले भायर बरेच लोक । लागले रेल्वेंत चडपाक । व्हड खोसयेन सगले ॥४२॥ बसले जेन्ना ते गाडयेंत । अचकीत तांकां हे दिसले पंत । शिरडीक वचपाचो तांचो बेत । कळ्ळो त्या पंतांक ॥४३॥ लोकां मदले बरेच पंतांचे इश्ट । तांचे मदले कांय वेय, वेण । वचपाचें नासुनूय पंतांच्या मनांत । बळयांच आगऱ्याक सांपडले ॥४४॥ सुरवातीक पंतांचो विचार । वचपाचें आसलें जे सुवातेर । तिकेटूय काडिल्ली वचपाक थंयसर । बदल्लो विचार तो मुखार ॥४५॥ इश्ट सोयरे लागले म्हणपाक । चलात वचुया शिरडीक । मनांत नासुनूय तांच्या आगऱ्याक । दिलो हयकार पंतांनी ॥४६॥ पंत देंवले विराराक । मंडळी गेली शिरडीक । उश्णे घेवन खर्चाक । पंतूय मुंबय गेले मागीर ॥४७॥ मोडपाक जमलेंना इश्टाचें मन । आपल्या गुरूची मान्यताय घेवन । आयले मागीर शिरडीक सांगातान । सगले मेळून खोसयेन ॥४८॥ गेले मशिदींत वचपाक । सकाळीं इकरांच्या अदमासाक । गर्दी भक्तांची पुजेक । जाले खुशाल ते पळोवन ॥४९॥ तेन्ना बाबांचें पळोवन ध्यान । जाले सगले खुशालसंपन्न । इतल्यान पंतांक मल्लुकें मारून । कोसळ्ळे ते जमनीर ॥५०॥ वगडायलें तांणी सिंतीद । पडले जावन बेशुद्ध । इश्टां मदीं पातळ्ळी भिरांत । जाले दुखेस्त सगलेच ॥५१॥ लोकांचो व्हड आदार । साईबाबांची कृपेची नदर । शिंपडटकूच उदक मस्तकार । आयले सिंतिदार परत ॥५२॥ येतकूच पूर्ण भानार । उठून बसले जाग्यार । दिसलें जशें जागरण खर । करून आतांच उठिल्ले वरीं ॥५३॥ बाबांनी अंतर्ज्ञानांतल्यान । तांची गुरूपुत्रताय वळखून । अभयाचें

आस्वासन दिवन । तांच्या गुरूभजनांत स्थापले ॥५४॥ म्हणलें प्रसंग कसलोय येवं दी । ''तकिया अपना छोडना नहीं । निश्चल रावचें [1]सद्दीं । पळोवचें अनन्य एकत्वीं'' ॥५५॥ पंतांक पटली ही खूण । आपल्या गुरूचें जालें स्मरण । साईबाबांचें कनवाळूपण । उरलो उगडास जीणभराचो ॥५६॥ तशेच एक मुंबयचे । गृहस्थ हरिश्चंद्र नांवाचे । पुताक दुयेंस मल्लुक्याचें । निर्शेल्ले सामके तातूंतल्यान ॥५७॥ देशविदेशांतले वैज केले । उपाय सगले फुकट गेले । यत्न करून पूर्ण थकले । उरिल्ले साधुसंत फकत ॥५८॥ सन एकुणीसशीं धांत । दासगणूंचीं किर्तनां चलत । श्रीसाईंची पातळ्ळी कीर्त । वाडली गर्दी शिरडीची ॥५९॥ ग्रामीण आसुनूय भाग्याची थोर । शिरडी जाली पंढरपूर । वाडलो म्हयमा अपरंपार । वाडली गर्दी आकांताची ॥६०॥ पिडा घालयतात दर्शनान । वा फकत हाताच्या स्पर्शान । तशेच शुद्ध कृपा नदरेन । आयल्यात अणभव लोकांक ॥६१॥ जातकूच अनन्य शरणागत । धन्य, कृतार्थ जाताले भक्त । वळखून सगल्यांचें मनोगत । पूर्ण करीत इत्सा तांच्यो ॥६२॥ उदी स्पर्शानूच पिशाच्चां पळटात । आशिर्वादान पिडा टळटात । कृपा नदरेन बादा चुकतात । लोक येताले धांवून ॥६३॥ अशें महात्म्य कथाकिर्तनांतल्यान । दासगणुंच्या ग्रंथांतल्यान । तशेंच आयकून एकामेकां कडल्यान । लागताली उमळशीक दर्शनाची ॥६४॥ उपाय सगले थकले । कुटुंबा सयत वाटेक लागले । [2]पितळे शिरडीक पावले । पूर्वपुण्यायेन दर्शनाक ॥६५॥ घालो पुताक पायांचेर । स्वताय दर्शनाक आयले मुखार । तेन्नाच घडलो चमत्कार । जाले पितळे सैरभैर ॥६६॥ साईंची जातकूच नदरेक नदर । भुरगो कोसळ्ळो भूंयेचेर । आकांत आवयबापायचेर । परतिले दोळे त्या भुरग्यान ॥६७॥ पडलो बेशुद्ध जमनीर । तोंडांत फेंस भरपूर । पालक जाले थतरवितर । खेपीत आपल्या कर्माक ॥६८॥ गेलो कसो दिसलो

---

१. सदांच. २. शेट हरिश्चंद्र पितळे.

स्वास । तोंडांतल्यान येतालो फेंस । सोडली जगपाची आस । बापूय गर्भगळीत पुराय ॥६९॥ अशे झटके अनेक । येवन गेल्ले त्या भुरग्याक । इतलो वेळ नासलो उरूंक । आदीं असो केन्नाच ॥७०॥ असलो केन्नाच पळोवंक नासलो । हो थारलो काळ जिवा वयलो । आवयचो जीव गळ्यांत पावलो । पळोवन स्थिती पुताची ॥७१॥ आयिल्लीं कित्याक घडलें कितें । कसले साधू कसलें कितें । केल्ली खटपट तिचें कितें । घातकी कित्याक [१]हे थारचे पांय ॥७२॥ चोराच्या भंयान घरांत घुसचें । तर घरूच आंगाचेर कोसळचें । तशेंच हें येवप आमचें । जालें अशें दिसलें ते मातेक ॥७३॥ वाग खातलो म्हूण गायेन । धांवपाक लागचें आकांतान । धरची वाटेर तिका कसायान । जालें हें पळयात तशेंच ॥७४॥ पांथस्थ वतांत तापलो । म्हणून झाडाचे सावळेक रावलो । जाल्यार तो रुखूच कोसळ्ळो । जाली गत ही तशीच ॥७५॥ श्रद्धा दवरून उपाट । पुजेक वच्चें देवळांत । आनी देवुळूच कोसळचें अचकीत । जालो प्रकार हो तसलोच ॥७६॥ आस्वासन बाबांनी दिलें मागीर । ''शांत जायात, धरात धीर । भुरग्याक दवरात दुसऱ्या जाग्यार । येतलो रोखडोच तो शुद्धीर ॥७७॥ व्हरात भुरग्याक बिराडार । रोखडोच कांय खिणां भितर । येतलो तो पूर्ण शुद्धीर । करूं नाकात गडबड बेठीच'' ॥७८॥ आसूं, फुडें तशेंच केलें । बाबांचें सांगणें खरें जालें । पितळे कुटुंब खुशाल जालें । गेले दुबाव विरगळून ॥७९॥ भुरग्याक त्या व्हरतकूच बिराडार । रोखडोच तो आयलो शुद्धीर । आवयबापायचो सोंपलो [२]घोर । उदेली खोस मुखामळार ॥८०॥ मागीर घेवन घरकान्नीक । आयले पितळे दर्शनाक । साश्टांग नमस्कार श्रीसाईंक । केलो नमळायेन अपार ॥८१॥ उठिल्लो पळोवन आपलो पूत । उपकार मनांतल्यान मानीत । बसले खुशालेन पांय चेपीत । तेन्ना विचारलें हांसत बाबांनी ॥८२॥ ''ल्हारां

१. श्रीसाईबाबांचे पांय. २. हुसको.

दुबावाचीं मनांतर्ली । जार्ली व्हय शांत आतां तरी । दवरून निश्ठा धरतलो सबुरी । राखतलो ताका श्रीहरी'' ॥८३॥ पितळे मूळचेच गिरेस्त । घरंदाज लोकीकवंत । मेवा मिठाय गांवभर वांटीत । ओंपीत बाबांक फळ पान ॥८४॥ घरकान्न तांची भोव सात्वीक । प्रेमळ श्रद्धाळू भावीक । बाबां कडेन पळयत टकमक । बसताली तेंकून खांब्याक ॥८५॥ पळयतां पळयतां दोळे भरचे । अशें तिणें सदांच करचें । पळोवन नवलावे तिच्या प्रेमाचे । भोव भुलचें बाबांनी ॥८६॥ जशे देव तशेच संत । भक्तप्रेमाक भुकेल्ले अत्यंत । अनन्य भावान तांकां जो पुजीत । करीत कृपेचो शिंवर ताचेर ॥८७॥ आसूं, लागली उमळशीक उपाट । वचपाची गांवघरा परत । आयली दर्शनाक मशिदींत । घेतली आज्ञा उदी बाबांची ॥८८॥ इतल्यान बाबांनी रुपया तीन । काडले आपल्या बोल्सांतल्यान । पितळ्यांक लागीं आपोवन । कितें सांगलें तें आयकात ॥८९॥ ''[१]बापू, आदीं तुका दोन । दिल्ले हांवें, तातूंत हे तीन । दवरून हांचें कर पुजन । जातलें भोव कल्याण तुजें'' ॥९०॥ पितळ्यांनी रुपया हातांत । घेतले खोसयेन उपाट । चरणीं लोटांगण घालीत । म्हणलें कृपा करात म्हाराजा ॥९१॥ तरीय आयलो विचार एक । आपूण तर पयलेच फावटीं शिरडीक । तरीय बाबा अशें कित्याक । उलयले तेंच समजना ॥९२॥ आदीं केन्नाच मेळूंकना । मागीर दिवपाचो प्रस्नूच येना । अर्थबोध कित्याचोच जायना । अजापले भोव मनांत ॥९३॥ खुलासो हाचो कसो जायत । पितळे पडले विचारांत । कळना बाबांच्या कितें मनांत । तरीय उरली गुढटाय तशीच ॥९४॥ सहज उलयले जरी संत । उतरां तीं जातलीं सत । जाणीव ही पितळ्यांच्या काळजांत । म्हणुनूच पडले ते विचारांत ॥९५॥ उपरांत जेन्ना मुंबयंत । गेले आपल्या घरांत । आसली जाणटी एक कुटुंबांत । केली पूर्ण तिणें उमळशीक ॥९६॥ आवय ती पितळ्यांची ।

१. ह्या नांवान श्रीसाई कोणाकूय व्हड प्रेमान उलो करताले.

सहज विचारतकूच खबर शिरडीची । आयली गजाल तीन रुपयांची । संबंद कथेचो जुळना जालो ॥९७॥ विचार करतकूच याद जाली । आवय तांकां सांगपाक लागली । उतरां बाबांचीं सत्य आसलीं । पूर्ण उगडास जालो म्हाका ॥९८॥ आतां तुवें पुताक व्हेलो । शिरडीक बाबांच्या पांयांचेर घालो । तसोच तुका बापायन व्हेल्लो । अक्कलकोटाक तेन्ना ॥९९॥ थंयचे म्हाराजूय सिद्ध । परोपकारी महाप्रसिद्ध । अंतर्ज्ञानी योगी प्रबुद्ध । बापुयूय शुद्ध आचरणाचो ॥१००॥ घेवन तुज्या बापायची पुजा । प्रसन्न जालो तो योगीराजा । प्रसाद म्हणून दोन रुपया । दिल्ले पुजा केल्ले खातीर ॥१०१॥ हेय आदले रुपया दोन । बाळा तुजे खातीर स्वामीन । दिल्ले तेन्ना प्रसाद म्हणून । पुजापाठ करपाक ॥१०२॥ तुमचें देवाऱ्यांतलें देवता पुजन । तातूंत आसले हे रुपया दोन । करतालो तांची पुजा नेमान । व्हड निश्ठेन तुजो बापूय ॥१०३॥ तांचे निश्ठेची म्हाकाच जाण । वागत गेले निश्ठे प्रमाण । पुजे उपकरणां हीं तांचे फाटल्यान । जालीं खेळणीं भुरग्यांचीं ॥१०४॥ निश्ठा गेली देवा वयली । पुजा करप लजेची थारली । अखेरेक ती बंदूच पडली । दखल रुपयांची घेना कोणूच ॥१०५॥ अशीं बरींच वर्सां गेलीं । रुपयांची त्या जतनायूच सोडली । आसले म्हणपाची यादूय गेली । पडले खंय तरी ते कोनशाक ॥१०६॥ आसूं, तुजें भाग्य व्हडलें । साईं निमतान [1]म्हाराजूच मेळ्ळे । यादी त्यो जागोवंक आयले । तशेंच संकश्ट निवारपाक ॥१०७॥ तरी आतां हांगाच्यान फुडें । सोडून दी सगले दुबाव [2]कुडे । पळय आपल्या पुर्वजांकडें । नाका वांकडे वेव्हार ॥१०८॥ करपाक लाग रुपयांचें पुजन । संतप्रसादाक मान भुशण । समर्थ साईन ही दाखयली खूण । पुनरुज्जिवन भक्तीचें ॥१०९॥ आयकतकूच ही आवयची कथा । उपाट खोस पितळ्यांच्या चित्ता । पटली साईंची व्यापकता । आनी सार्थकताय

---

१. अक्कलकोटचे स्वामी समर्थ. २. द्वेश.

दर्शनाची ॥११०॥ आवयच्या उतरांचें अमृत । नश्ट भावना करी जागृत । दिलें पश्चातापाचें प्रायश्चीत । दाखयलें हीत फुडाराचें ॥१११॥ आसूं, जावपाचें जावन गेलें । फुडल्या कार्याक संतांनी जागयले । मानून तांचे उपकार व्हडले । रावले जागृत निजकार्याक ॥११२॥ असोच आनीक एक अणभव । सांगतां आयकात दिवन भाव । भक्तांच्या स्वेत्साचारी मनाचे सभाव । बाबा आवरीत कशे ताचो ॥११३॥ गोपाळ नारायण आंबेडकर । नांवाचो एक पुणेंकर । आसलो बाबांचो भक्तप्रवर । आयकात कथा ताची सादर ॥११४॥ आंग्लभुंयेंत सरकार दरबारीं । अबकारी खात्यांत ताची नोकरी । धा वर्सां जातकूच ती । बसलो सोडून घरांत ॥११५॥ नशीब घुंवलें जाले पारखे । सगलेच दीस नासतात सारके । आयले ग्रहदशेचे [१]गरके । भोगले बगर ना सुटका कशीच ॥११६॥ सुरवातीक ठाणें जिल्ल्यांत नोकर । फुडें नशिबांत आयलें [२]जव्हार । आसले जंय अंमलदार । जाले बेकार थंयच्यानूच ॥११७॥ नोकरी ही उदक [३]आळवा वयलें । परत कशें जाग्यार पडटलें । यत्न खर करून पळयले । तांणी त्या वेळार ॥११८॥ मात आयलेंना तातूंत येस । निश्चेव केलो रावचें [४]स्ववश । संकश्टांचो जालो कळस । निरशेले सगल्या वटांनी ॥११९॥ वर्सांच्ीं वर्सां बेकारेंत गेलीं । आशिल्ल्या नाशिल्ल्याची माती जाली । संकश्टांचेर संकश्टां आयलीं । जालें जगप कुस्तार ॥१२०॥ अशीं गेलीं वर्सां सात । दर वर्सा शिरडीक वचत । बाबां मुखार गाराणें मांडीत । लोटांगणां घालीत दीसरात ॥१२१॥ वर्स एकुणीसशीं सोळांत । खचले पूर्ण मनांत । आत्महत्त्येचो विचार मनांत । शिरडी क्षेत्रांत वचून ॥१२२॥ घरकान्नी सयत त्या वेळार । रावले शिरडीक म्हयनोभर । कितें एके राती वेळार । घडली घडणूक ती आयकात ॥१२३॥ दीक्षितांच्या वाड्या मुखार । एके बैलांचे गाडयेचेर । बशिल्ले

१. वाटोळें, भोंवताडे. २. शारा लागींचे गांव. ३. तेऱ्याचो खोलो. ४. मेकळो, स्वतंत्र.

आसतना आंबेडकर । चलताली मनाची घालमेल ॥१२४॥ उबगल्ले ते जिणेक । निरशेवणी सामकी मनाक । नाकात हे त्रास आतां आनीक । सोडिल्ली आस जगपाची ॥१२५॥ करून असो विचार । जावन जिवाचेर उदार । बांयंत उडी मारपाक तयार । जाले तेन्ना आंबेडकर ॥१२६॥ आनीक कोण नात लागीं । पळोवन ती संद बरी । करची मनाची इत्सा पुरी । जावचो दुख्खा मेकळो एकदांचो ॥१२७॥ आत्महत्त्येचें पाप भयंकर । तरीय मनाचो केलो निर्धार । पूण बाबा साई सुत्रधार । तांणी हो अविचार केलो पयस ॥१२८॥ थंयच चार पावलांचेर । एका खानावळ चलोवप्याचें घर । ताकाय बाबांचोच आदार । तोय सेवेकरी बाबांचो ॥१२९॥ सगुणान येवन हुंबऱ्यार । विचारलें आंबेडकरांक त्या वेळार । ही अक्कलकोट स्वामींची पोथी केन्ना तरी । वाचिल्ली व्हय आदीं तुवेंन ॥१३०॥ पळोवया ती पोथी म्हणून । घेतली हातांत आंबेडकरान । पळयलीं पानां सहज चाळून । वाचपाक लागले मदींच ॥१३१॥ कर्मधर्मसंयोग कसो । विशयूय आयलो ज्युस्त तसो । अंतर्वृत्तींत वाचपा सारको । आयलो अणभव तत्काळ ॥१३२॥ आपसूक आयली जी कथा । समेस्त श्रोत्यांक सांगतां आतां । तात्पर्य अर्थान ल्हान करतां । ग्रंथ विस्तारतलो म्हणून ॥१३३॥ अक्कलकोटीचे संतश्रेश्ठ । आसतना म्हाराज अंतर्निश्ट । भक्त एक भोव पिडेस्त । जालो खंती दुखेस्त ॥१३४॥ केली सेवा अनेक दीस । पिडा मुक्तीची धरून आस । तरीय सोंसूंक जायनात ते कश्ट । जालो दुखेस्त सामकोच ॥१३५॥ करून आत्महत्त्येचो निर्धार । पळोवन रातीचो प्रहर । वचून एके बांयचेर । केलो नाश कुडीचो ॥१३६॥ इतल्यान म्हाराज थंय आयले । स्वता ताका जिवदान दिलें । ''भोगपाचें आसा तें भोगचेंच पडटलें'' । केलो उपदेश उपरांत ताका ॥१३७॥ आपल्या आदल्या कर्मा प्रमाण । दुख्ख कश्ट भोगले वीण । जाले बगर भोग भोगून । आत्महत्त्या योग करतलो कितें ॥१३८॥ हो भोग उरल्यार अर्दकुटो । जल्म

घेवचो पडटा दुसरो । म्हणून तसोच सोंस कश्ट मातसो । आत्महत्त्यारो नाका जावंक ॥१३९॥ कथानक हें वाचले उपरांत । जाले आंबेडकर अजापीत । लजेक पडलो अवचीत । पळोवन व्यापकताय बाबांची ॥१४०॥ आंबेडकर मनांत समजले । आदलें कर्म भोगचेंच पडटलें । हेंच ह्या प्रसंगांतल्यान सुचयलें । केलेंना धाडस तेंच जालें बरें ॥१४१॥ जशी वाचा आकाशवाणी । तशीच ह्या दृश्टांताची करणी । भक्ती जडली साईंच्या चरणीं । अघटीत घटणी बाबांची ॥१४२॥ साईंची शिटकावणी सगुणाच्या मुखांतल्यान । अशे तरेन त्या पुस्तकांतल्यान । पावूंक नासली जर आपले मेरेन । जावपाची दुर्दशा जल्माची ॥१४३॥ फुकट जीव वचपाचो । घरकान्नीचेरूय काळ येवपाचो । कुटुंबाचेर खेव पडपाचो । मुकपाचों सुवार्थ परमार्थाक ॥१४४॥ पोथयेचें करून निमीत्त । बाबांनी सगुणाक केलो प्रवृत्त । करपा पसून आत्मघात । वळोवपाक मन म्हजें दुसरे कडेन ॥१४५॥ प्रकार जर तो नासलो घडूंक । बावडो फुकट मुकपाचो जिवाक । मात जंय साईं सारको तारक । तो कितें मारपी मारतलो ॥१४६॥ अक्कलकोट स्वामींची भक्ती । ह्या भक्ताच्या बापायक आसली । तीच फुडें चलयात ही प्रचिती । हाडून दिली बाबांनी तांकां ॥१४७॥ आसूं, मुखार बरेंच जालें । तेय दीस पयस गेले । ज्योतिशविद्येंत कश्ट केले । फळूय योग्य आयलें ताचें ॥१४८॥ साईकृपेच्या प्रसादान । फुडें बरे दीस येवन । ज्योतिशविद्येंतल्या प्राविण्यान । गरिबी जाली पयस तांची ॥१४९॥ वाडलें गुरूचरणीं प्रेम । मेळळें सूख कुशल क्षेम । मेळळें गृहसौख्य आराम । जाली जीण तांची सुखाची ॥१५०॥ अशे असंख्य चमत्कार । एका परस एक थोर । सांगल्यार जातलो ग्रंथविस्तार । म्हणून फकत सार सांगलो ॥१५१॥ हेमाड साईचरणांचेर शरण । फुडल्या अध्यायांत गोड कथन । विष्णुसहस्रनामाचें दान । दिलें बाबांनी [1]शामाक ॥१५२॥

१. माधवराव देशपांडे.

नाका नाका म्हणटनाय शामान । बाबांनी व्हड अपुरबायेन । सोबीत माहात्म्य सांगून । दिलें सहस्रनाम बळयांच ॥१५३॥ आतां आयकात ती कथा । अनुग्रहाचो जेन्ना वेळ येता । शिश्याची नासली तरीय इत्सा । बाबा तो दितना दिसतले ॥१५४॥ अनुग्रहाची आगळी रीत । कशी आसता सद्‌गुरूच्या घरांत । दिसून येतली अध्यायांत । श्रोत्यांनो आदरान आयकात ॥१५५॥ कल्याणाचें जें कल्याण । तो हो साई गुणनिधान । सभाग्य पुण्यश्रवण किर्तन । चरित्र पावन जांचें ॥१५६॥ संतसज्जनांनो तुमच्या आशिर्वादान । रचिल्लो भक्त हेमाडपंतान । जय अणकारीत श्रीसाईसच्चरितांतल्यान । मोडणें, आत्महत्या निवारणं नांवाचो हो सविसावो अध्याय सोंपता हांगाच ॥

॥ श्रीसद्‌गुरूसाईनाथार्पणमस्तु ॥ शुभं भवतु ॥

❍ ❍ ❍